# पीसी-पीएनडीटी कायद्याक पाळो न दिवपी क्लिनीकांचे परवाने रद्द करपाचो निर्णय

ता. 28 ऑगस्ट 2018
6 श्रावण 1940

पीसी-पीएनडीटी कायद्यातल्या नेमाप्रमाण ज्या क्लिनीकांचे मालक आपल्या परवान्याचे नुतनीकरण करपाखातीर मुदत सोपच्या 30 दिसा पयली अर्ज करचे नात, अशा क्लिनीकांचे परवाने रद्द करपाचो निर्णय दक्षिण जिल्हो पीसी-पीएनडीटी कायदो सल्लागार समितीन घेतला.

दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी आनी जिल्हो पीसी-पीएनडीटी सल्लागार समितीचे अध्यक्ष डॉ. तारीक थॉमस हांच्या अध्यक्षतेखाला जाल्ल्या बसकेत कायद्याच्या वेगवेगळया तरतूदीचेर भासाभास जाली.

क्लिनीकांचे मालक परवान्याची मुदत सोपले उपरांत नुतनीकरणाखातीर अर्ज करतात अशें समितीच्या निदर्शनाक हाडून दिले. दोळयांच्या उपचाराखातीर युएसजी सुविधांची नोंदणी करपाच्या प्रस्नांचेरय बसकेत चर्चा जाली आनी त्याखातीर संबदीत अधिका-याकडल्यान सविस्तर नियाळ मागोवपाचो निर्णय घेतलो.

हॉस्पिसिओ हॉस्पिटलाचे वैजकीय अधिक्षक डॉ. आयरा आल्मेदा, स्त्रीरोगतज्ञ डॉ. मिनाक्षी पाणंदीकर, रेडियोलॉजीस्ट डॉ.एम.धोंड, माहिती खात्याचे पालवी माहिती अधिकारी श्री. ऑल्विन पेरेरा आनी हेर वांगडी बसकेक हजर आशिल्ले.